आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date: 08/08/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

40

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी रक्षाबंधनाच्या फातभूयेर नागरिकांक परबीं दिल्यांत. रक्षाबंधन हो पवित्र उत्सव भाव-भयणीं मदल्या मोगाच्या आनी विस्वासाच्या खाशेल्या बंधनाचें प्रतीक आसा अशें ताणी आपल्या संदेशांत म्हणला. ह्या उत्सवाक लागून समाजांत एकचार आनी एकवटाची भावना वाडटा अशें ताणी सांगलें

70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 10 ऑगस्टाक अमृतसर आनी श्री माता वैष्णो देवी कटरा मजगत वंदे भारत एक्सप्रेस रेल्वेक आभासी पात्रद्यावरवी

पाचवो बावटो दाखयतलें . मंगळार सोडून सप्तकांतले हेर स दीस ही गाडी चलतली मजगतीं, उत्तर रेल्वेन काश्मीर देगणांतलें अनंतनाग रेल्वे स्टेशन माल येरादारी खातीर उक्तें केलां. काश्मीर देगणाची अर्थवेवस्था वाडोवपाच्या हेतान अनंतनाग स्टेशना वयल्यान मालाची येरादारी सुरू केल्या अशें रेल्वेच्या निवेदनांत म्हणलां. हाका लागून काश्मीर देगणांतल्या फळां, हस्तकला आनी हेर वस्तूंची बरी बाजारपेठ मेळटली.

प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणेच्या गिरायकांक 2025-26 वर्सा खातीर लक्ष्यित अनुदान चालू दवरपाक सरकारान मान्यताय दिल्या, जातूंत अदमासाक 12 हजार कोटी रुपयां परस चड खर्च येतलो अशी म्हायती आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी दिली . हे येवजणेचो 10पूज्य 33 कोटी वयर कुटुंबांक लाव जाला. दर वर्सा णव रिफिला खातीर दर 14.2 किलो सिलिंडराक 300 रुपया लक्ष्यित अनुदान सरकार दितलें.

50

बिहारांतल्या खाशेल्या सघन सुदारणां प्रस्नाचेर विरोधकांनी केल्ल्या बोवाळाक लागून संसदेच्या दोनूय सभाघरांचे कामकाज पयली दनपारां 3:00 मेरेन उपरांत दिसभराखातीर स्थगीत केले. सकाळीं 11 वरांचेर कार्यवाही सुरू जाली तेन्ना भारत छोडो आंदोलनातल्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांक आयज संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी आर्गा ओपली .(ब्य्तेस २५ सेक) . तशेच आदले वांगदी आनी राज्यपाल सरगेस्त सत्यपाल मलिक हांकां श्रद्धांजली दिली.

40

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी भारताचो लॉजिस्टिक्स खर्च अंदू वर्साच्या निमाणेक 9 टक्क्यां मेरेन उणो जातलो असो विस्वास उक्तायला. आयज नवी दिल्लींत खाजगी खबरां चॅनलान आयोजीत केल्ले परिशदेंत उलयतना ताणी सांगले

80

केंद्र सरकार राष्ट्रीय भलायकी मिशन म्हळयार एनएचएम खाला राज्यांक मुळावी बांदावळ घटमूट करपा वांगडाच मनीसबळाची गरज भागोवंपाक तंत्रीक आनी अर्थीक मजत दिता अशें भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें. नरेंद्र मोदी सरकार दोतोर आनी तज्ञ दोतोरांची उपलब्धताय वाडोवपाक बांदिल आसा. वैजकी वेवसायिकां खातीर वाडत आशिल्ली मागणी पुराय करपा खातीर सरकारान 157 नवे वैजकी म्हाविद्यालय स्थापन केल्यात अशें तिणें मुखार सांगलें. नर्सिंग वेवसायिकांचो उणाव जावचो न्हय म्हणून वैजकी म्हाविद्यालयां वांगडाच नर्सिंग म्हाविद्यालयां स्थापन करतात अशेंय तिणे सांगलें

.

25

देशभरांतल्या टोमॅटोच्या किरकोळ दरांत जाल्ली वाडही मुळाव्या मागणी-पुरवण असंतुलनाक लागून वा उत्पादनांतल्या उणावाक लागून न्हय तर तात्पुरत्या थळाव्या घटकांक लागून जाला अशें सरकारान स्पष्ट केला .

50

वेंचणूक आयोगान जायत्या राज्यांची ई मतदार वळेरी आपल्या संकेतथळा वयल्यान काडून उडयल्याचो दावो करपी वेगवेगळया सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्मांचेर पातळिल्यो खबरो

न्हयकारल्यात . ही खबर फटीची आसा अशें आयोगान सांगलें. तशेंच कोणाकूयvoters.eci.gov.in ह्या संकेतथळा वरवीं खंयच्याय 36 राज्यांची आनी संघराज्य प्रदेशांची मतदार वळेरी डावनलोड करपाक मेळटली अशें सांगलां.

30

अर्थवेवस्थेक गती दिवपा खातीर तरणाट्यांनीकुशळटाय उदरगतींत गुंतवणूक करप गरजेचें आसाअशें केंद्रीय कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्री जयंत चौधरी हांणी म्हणला.आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या फिसीसी ग्लोबल स्किल समिट 2025 त ते उलयताले.

60

उत्तराखंडांतल्या बाधित धराली वाठारांत सेगीत  चवथ्या दिसा मजत आनी बचाव कार्या चालू आसा .केंद्र आनी राज्य सरकाराचे पंगड हे कारवायेंत सक्रीयपणान वांटो घेतात. आतां मेरेन 372 जाणांक सुरक्षीतपणान भायर काडून आयटीबीपी शिबिरांनी स्थलांतरीत केल्यात. लोकांक भायर काडपा खातीर चिनूक आनी एमआय-17 विमानांचो वापर सुरू आसा. मजगतीं, मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हाणी आयज धाराळींत चालू आशिल्ल्या आदार आनी बचाव कार्यावळींचो नियाळ घेतलो.

भारतीय हवामान खात्यान उदेंत उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडाच्या काय  वाठारांनी आयज उटनगराच्या पडपा खातीर रेड अलर्ट जारी केला. तशेच बिहार, ओडिशा, अस्तंत बंगाल आनी झारखंडांत चड पावसाखातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला

उत्तर प्रदेशांत काल सावन सब-जूनियर नॅशनल बॉक्सिंग चॅम्पियनशिप सुरू जाला

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.